राष्ट्रीय खबरो 23.12.2025 @ 8.40 AM

मुखेल खबरो

- गोयच्या जिल्ह पंचायत वेचणूकेंत भाजपा-एमजीपी युती परिवाराक भरभरून आदार दिल्ल्या खातीर गोंयांतल्या म्हज्या भाव-भयणींचे उपकार मानतां आशे प्रसध्यानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी म्हणला
- भारत आणि न्यूझीलंडान ईतिहासिक मुक्त व्यापार कबलात वाटाघाटी यशस्वीरित्या पूराय केल्याची घोषणा केली
- पश्चिम बंगालात, मतदार वळेरीच्या विशेष सघन पुनरावृत्ती (SIR) अंतर्गत सुनावणीच्या पयल्या टप्प्यात सुमार 32 लाख अनमॅपड मतदारांक चवकशेक आपयतले.
- बायलांच्या क्रिकेटांत भारत आनी श्रीलंका हांचे मदीं जावपी पांच मॅचींच्या मालिकेचो दुसरो टी-20 खेळ आज विशाखापत्तनमांत जातलो

रश्मी 220

GOYCHYA जिल्हो पंचायत वेंचणुके खातीरचो निकाल जाहीर जालो. गोंयच्या मतदारांनी उत्तर तशेचं दक्षीण गोंयांत भाजपाच्या आनी युतीच्या उमेदवारांक जैतीवंत केल्या खातीर मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी गोंयच्या मतदारांचे उपकार मानल्यात. सर्वांगिण उदरगत करपाखातीर भाजपाचे डबल इंजिनाचे सरकार ह्याफुडे- लेगीत अशेच नेटान काम सुरु दवरतले अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला.भाजपान, ४० भाजपाचे, युतीचे ३ असे एकुण ५०AATLE ४३ उमेदवार उबे केल्ले. कांय कडे जर आमी हरल्यात थंय आम्ही कमी पडले,खुप कमी मार्जिनान आमी ह्या सुवातींचेर हरल्यात , मात थंय परत भाजपा घटमुट करपाक पक्ष काम करतलो अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला

पणजे भाजप मुख्यालयात ह्या पत्रकार परीशदेक राज्यसभेचे खासदार सदानंद शेट तानावडे, प्रदेशाध्यक्ष दामोदर नायक, पंचायत मंत्री माविन गुदिन्हो, भाजपाचे

फुडारी विनय तेंडुलकार हाजीर आशिल्ले. दक्षीण गोंयात लेगीत भाजपाक मतदारांचो बरो प्रतिसाद मेळ्ळा,जाल्यार मतदारांनी कॉग्रेसीक न्हंयकारल्यात तशेचं मशिनांत घोळ करुन वोट चोरी करुन भाजप जिखता अशे म्हणीत आरोप करपी विरोधकांक जिल्हो पंचायत वेंचणुक बॅलेट पेपरात वेंचणुक घेवन भाजपान, भाजपा पारदर्शकतेन आनी लोकांच्या विस्वासाचेंर पात्र थारल्यात अशे प्रदेसाध्यक्ष दामोदर नायक हांणी म्हणला. गोंय सुशासना वांगडा आणि पुरोगामी राजकारणा वांगडा उबें आसा. जिलो परिशदेचे वेंचणुकेंत भाजपा-एमजीपी युती परिवाराक भरभरून आदार दिल्ल्या खातीर गोंयांतल्या म्हज्या भाव-भयणींचे उपकार मानतां. हाका लागून गोंयचे उदरगती खातीर आमच्या यत्नांक चड बळगें मेळटलें. ह्या सोबीत राज्यांतल्या लोकांचीं सपनां आनी आकांक्षा पुराय करपाक आमी कटिबद्ध आसात.आमच्या मेहनती एनडीए कार्यकर्त्यांनी तोखणायेचें काम केलां, जाका लागून हो निकाल मेळ्ळा अशे प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी आपल्या संदेशात म्हणला

जी राम जी 65

विकसित भारत रोजगार हमी आनी आजीविका अभियान ग्रामीण, म्हणजे जी राम जी विधेयक 2025क राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हाणी मंजुरी दिली. संसदेन हे विधेयक हालींच सोंपिल्ल्या शियाळी अधिवेशना वेळार मंजूर केल्ले. हो कायदो विकसित भारत @ २०४७ च्या राष्ट्रीय दृष्टिकोना कडेन सुसंगत अशी ग्रामीण विकासाची चौकट स्थापित करपाचो प्रयत्न करता. ह्या कायद्या खाला, ज्या कुटुंबातलो प्रौढ सदस्य अकुशल शारीरिक काम करपाक तयार आसा, अशा प्रत्येक ग्रामीण कुटुंबाक प्रत्येक आर्थिक वर्सात किमान 125 दिसांच्या मजुरी अंतर्गतच्या रोजगाराची वैधानिक हमी दिल्या.

IND-NZ 150

भारत आणि न्यूझीलंडान ईतिहासिक मुक्त व्यापार  कबलात वाटाघाटी यशस्वीरित्या पूराय केल्याची घोषणा केली, जी भारताच्या इंडो-पॅसिफिक प्रदेशाकडे आशिल्या संबंधांनी एक प्रमुख आर्थिक आणि धोरणात्मक पांवडो आसा. ५ औपचारिक वाटाघाटी फेरयो, खुपशे प्रत्यक्ष आणि आभासी मध्यस्थी अशी सतत आणि तीव्र चर्चा करून ही कबलात पुराय जाली. नवी दिल्लीत माध्यमांक माहिती देताना केंद्रीय वाणिज्य आणि उद्योग मंत्री पियुष गोयल हांणी म्हणले की, मुक्त व्यापार कबलात शेतकार, उद्योजक, विद्यार्थी, बायला आणि नवो/नमेषकां खातीर व्यापार उभारणी वरवी विविध संधी निर्माण करतले. **Byte FARMER**

न्यूझीलंडा वांगडा कबलात प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी आणि त्यांचे सम पदस्थ लक्सन हांचेमदले संबंधांक उच्च धोरणात्मक पातळीर व्हरपाची दूरदृष्टी प्रतिबिंबित करता. त्यांनी मुखार अधोरेखित केले की भारत-न्यूझीलंड एफटीए भारताच्या १०० टक्के निर्यातीर शून्य शुल्क सुनिश्चित करतले, सगळ्या टॅरिफ रेषांतल्यान टॅरिफ काढून उडयतले, जाका लागुन शेतकार, एमएसएमई, कामगार, कारागीर, बायला-फुडारपणाखालचे उद्योग आणि तरणाट्यांक  फायदो जातलोच तर कापड, वस्त्र, चामडे आणि पादत्राणां यासारख्या कामगार-केंद्रित क्षेत्रां खातीर प्रचंड संधी उपलब्ध जातली अशे गोयल हाणी म्हळे.**byte**

**हयो खबरो तुमी आकाशवाणी पणजी केंद्रवेल्यान आयकतात**

**आता मुखवेलयो खबरो**

Nadda 110

भारतभर इन्फ्लूएंझाची तयारी आनी प्रतिसाद दिवपा खातीर केंद्र आनी राज्यांचे समन्वित आणि सहयोगी यत्न गरजेचे आसा हाचेर केंद्रीय भलायकी आनी कुटुंब कल्याण मंत्री जे.पी.नड्डा हांणी भर दिलो. नवी दिल्लींत 'इन्फ्लूएंझा तयारी आनी प्रतिसादा खातीर आंतर मंत्रालयीन आनी आंतरक्षेत्रीय समन्वय घटमूट करप' ह्या विशयाचेर दोन दिसांच्या विचारमंथन सत्राच्या उक्तावण अधिवेशनांत आभासी

पद्धतीन उलयतना तानी म्हणले. वाडिव  क्षमताये सयत येवपी इन्फ्लूएंझा हंगामा खातीर तयारी आनी प्रतिसाद कार्यावळी योग्य रितीन **जुळोवप** म्हत्वाचें अशें तानी भर दिलो. काल सुरू जाल्ल्या दोन दिसांच्या अधिवेशनांत वेगवेगळी मंत्रालयां, खाती आनी संस्थांच्या सुमार 110 प्रतिनिधींनी वांटो घेतला

YADAV 70

पर्यावरण, रान आणि हवामान बदल मंत्री भूपेंद्र यादव यांनी स्पष्ट केले की सरकार अरावली प्रदेशात शारीकरणाची कसलीच योजना आखना आणि त्यांचे एकमेव आणि विशेष लक्ष या पर्वत/रांगांचे संरक्षण करपाचेर आसा. नवी दिल्लीत एका वृत्तसंस्थेकडे उलयताना  यादव हाणी म्हणले की फुलेरा, अजमेर, उदयपूर आणि बुंदीसयत खुपशी शारां पयलीच अरावलीत आसात, जय शतकान/शतका मानव रावतात. सर्वोच्च न्यायालयान अरावलींचे संरक्षित क्षेत्र परि/भाषित केला.व्याख्येच्या आधारान, राज्यांक कडक नियम तयार करप आवश्यक आसा अशे तांणी म्हणले. जवळजवळ ९० टक्के क्षेत्रात खाणकाम शक्य ना अशे ताणी म्हणले. **BYTE-**

SIR

पश्चिम बंगालात, मतदार वळेरीच्या विशेष सघन पुनरावृत्ती (SIR) अंतर्गत सुनावणीच्या पयल्या टप्प्यात सुमार 32 लाख अनमॅपड मतदारांक चवकशेक आपयतले. राज्य, मुख्य वेचणूक अधिकाऱ्यांच्या कार्यालयातल्या अधिकाऱ्यांनी सांगले की, गणनेच्या टप्प्यात, राज्यभरात एकूण एकतीस लाख अडसष्ट हजार चारशे चोवीस अनमॅपड मतदारांची वळख पटयल्या. ज्या श्रेणीमदी मतदार 2002 च्या मतदार वळेरीतल्या कुटुंबातल्या सदस्यां कडे त्यांची नावा जोडू शक नाशिल्ले तांची सुनावणी 27 डिसेंबरपासून सुरू जातली. ही प्रक्रिया जिल्हा दंडाधिकारी कार्यालया, उपविभागीय कार्यालया, विविध सरकारी विभाग तसेच शाळा आणि महाविद्यालयांत करतले. प्रत्येक सुनावणी सूक्ष्म निरीक्षकांच्या देखरेखी/खाला करतले. 24 डिसेंबराक कोलकाता हांगा दोन टप्प्यात 4,000 सूक्ष्म निरीक्षकां खातीर प्रशिक्षण आयोजित करतले

IMD 110

भारतीय हवामान विभाग आयएमडी न दिल्ली, हरियाणा, चंदीगड, हिमाचल प्रदेश, जम्मू आणि काश्मीर, लडाख, ओडिशा, राजस्थान, उत्तराखंड आणि देशाच्या ईशान्य भागात आज दाट धुक्याची शक्यता उक्तायल्या. हवामान संस्थेन या महिन्याच्या २७ तारखे मेरेन पंजाबात दाट ते खूप दाट धुक्याचो अंदाज दिला. देशातल्या वेगवेगळ्या भागात दाट धुक्याची चादर पातळल्या, जाका लागुन दैनंदिन जीणेचेर परिणाम झाला . राष्ट्रीय राजधानीत दाट धुक्याक लागुन हवाई आणि रेल्वे येरादारी विस्कळीत झाली. आकाशवाणी न्यूज कडे उलयताना, दिल्ली विमानतळाच्या एका अधिकाऱ्यान सांगले की इंदिरा गांधी आंतरराष्ट्रीय विमानतळार कमी दृश्यमानतेक लागुन सुमार १४ उड्डाणां रद्द केली. भारतीय रेल्वेच्या दिल्ली विभागान माहिती दिली की दिल्लीकडे वचपी खुपशा गाड्यांच्या येरादारीचेर परिणाम जाला, ३५ परस चड  गाडयो तीन वरां परस चड  उसरा गेल्यो

क्रिकेट  50

बायलांच्या क्रिकेटांत भारत आनी श्रीलंका हांचे मदीं जावपी पांच मॅचींच्या मालिकेचो दुसरो  टी-20 खेळ  आज  विशाखापत्तनमांत जातलो . मेच सांजवेळा 7 वरांचेर सुरू जातली. हे मालिकेंत यजमानांनी 1-0 अशी आघाडी घेतल्या.

आता खबरो सोपोवचे पायली परत एक फावट काय मुखेल खबरो

- गोयच्या जिल्ह पंचायत वेचणूकेंत भाजपा-एमजीपी युती परिवाराक भरभरून आदार दिल्ल्या खातीर गोंयांतल्या म्हज्या भाव-भयणींचे उपकार मानतां आशे प्रसध्यानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी म्हणला
- भारत आणि न्यूझीलंडान ईतिहासिक मुक्त व्यापार कबलात वाटाघाटी यशस्वीरित्या पूराय केल्याची घोषणा केली
- पश्चिम बंगालात, मतदार वळेरीच्या विशेष सघन पुनरावृत्ती (SIR) अंतर्गत सुनावणीच्या पयल्या टप्प्यात सुमार 32 लाख अनमॅपड मतदारांक चवकशेक आपयतले.
- बायलांच्या क्रिकेटांत भारत आनी श्रीलंका हांचे मदीं जावपी पांच मॅचींच्या मालिकेचो दुसरो टी-20 खेळ आज विशाखापत्तनमांत जातलो

----------